Panaji National

19th May 2025 8.40Am

ऑपरेशन सिंदूर भारताच्या संरक्षण सिध्दांतांतलो एक महत्वाचो टप्पो - जातूंत तीनूय सेवां मदीं समन्वय, रणनितीक खोलाय आनी तंत्रीक वर्चस्व हाजे प्रदर्शन जाले अशें संरक्षण मंत्रालयान सांगलें.

भारतीय अंतराळ संशोधन संस्था - इस्रोन पीएसएलव्ही रॉकेटान पृथ्वी निरीक्षण उपग्रह EOS-09 आपल्या उद्देशित कक्षेंत घालपाक अपेस आयिल्ल्याची चवकशी करपा खातीर एक समिती स्थापन केल्या.

आंतरराष्ट्रीय नाणेनिधीन पाकिस्तानचेर आपल्या मजत कार्यावळीचो फुडलो ट्प्पो जारी करपाखातीर ११ नव्यो अटी घाल्या.

फुडले पांच दिस केरळ, कर्नाटक, कोंकण, गोंय आनी महाराष्ट्रांत घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.

अरुणाचल प्रदेशांतल्या युपियात काल जाल्ल्या फायनलींत पेनल्टी शूटआउटांत बांगलादेशाक हारोवन भारतान SAFF अंडर-19 चॅम्पियनशिप 2025 जिखली.

OPERATION SINDOOR – SYNERGY - 115

ऑपरेशन सिंदूर भारताच्या संरक्षण सिध्दांतांतलो एक महत्वाचो टप्पो थारलो - जातूंत तीनूय सेवां मदीं समन्वय, रणनितीक खोलाय आनी तंत्रीक वर्चस्व हाजे प्रदर्शन जाले अशें संरक्षण मंत्रालयान काल सांगलें. पहलगाम आतंकवादी हल्ल्या उपरांत सुरू केल्ल्या ऑपरेशन सिंदूरांत अचूकता, व्यावसायिकता आणि उद्देशपूर्णतेन तिनूय-सेवांच्या प्रतिसादाचे दर्शन घडयले. नियंत्रण रेषेपलीकडे आणि आनी पाकिस्ताना भितर खोल आशिल्ल्या दहशतवादी ळावी बांदावळ नश्ट करपा खातीर ही दंडात्मक आणि लक्ष्यित कारवाय म्हणून या ऑपेरेशनची परीकल्पना केल्ली, अशे मंत्रालयान म्हळें.

पाकिस्तानांतल्या आतंकवादी मुळाव्या साधनसुविधांचेर अचूक हल्लो करपाक भारतीय हवाई दळाचो म्हत्वाचो वांटो आशिल्लो. त्यांनी नूर खान एअर base आणि रहीमयार खान एयर बेस सारख्या तळांचेर उच्च-प्रभावी हवाई कारवाया केल्या.

नौदलान मिग-२९के लढाऊ विमाना आणि हवेतील पूर्वसूचना दिवपी हेलिकॉप्टरानि सुसज्ज आशिल्ले तांचे कैरियर बैटल ग्रुप तैनात केले.

Amit Shah –95

आतंकवादा आडच्या झुजांत ऑपरेशन सिंदूर ही इतिहासीक कामगिरी थारल्या अशें केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह हाणी सांगलां. ऑपरेशन सिंदूर हे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या राजकीय इच्छाशक्तीचे, भारतीय सशस्त्र दलांच्या धाडसाचे आणि भारतीय गुप्तचर संस्थांच्या अचूकतेचे प्रतीक आसा अशे तांणी म्हळें. अहमदाबाद महानगरपालिकेच्या १,५०० कोटी रुपयां परस चड मोलाच्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण केल्या उपरांत भौशीक मेळाव्यांत उलयतना शाह हाणी सांगलें, हे कारवायेक लागून भारताच्या संरक्षण वेवस्थेचें बळगें दाखयलेंच पूण दहशतवादाचे सुरक्षित आश्रयस्थान म्हणून पाकिस्तानाक जगासमोर उघड केले.

ISRO – 105

भारतीय अंतराळ संशोधन संस्था - इस्रोन पीएसएलव्ही रॉकेटान पृथ्वी निरीक्षण उपग्रह EOS-09 आपल्या उद्देशित कक्षेंत घालपाक अपेस आयिल्ल्या घडणुकेची चवकशी करपा खातीर एक समिती स्थापन केल्या. कारण सोदून काडपा खातीर समितीन काल बरिच  चर्चा केल्यात अशें इसरोचे अध्यक्ष व्ही नारायणन हांणी सांगलें. काल श्रीहरिकोटासावन प्रक्षेपण केल्या उपरांत कांय मिण्टांनी पोलर सॅटेलाइट लांच व्हीकल-पीएसएलव्ही-सी61 रॉकेटात इबाद जाल्ल्यान इसरोक आपलो पृथ्वी निरिक्षण उपग्रह कक्षेत दवरपाक अपेस आयलें. डॉ नारायणन हांणी सांगलें, हो रॉकेट चार टप्प्यांचें वाहन. पयले दोन पांवडे येसस्वीपणान पुराय जाले. एका प्रस्नाक जाप दितना डॉ नारायणन हांणी सांगलें, इसरो आपली येता ती प्रक्षेपणा चालूच  दवरतले. अंतरिक्ष एजन्सीन अंदू दर म्हयन्याक एक मोहीम आंखल्या अशें तांणी सांगलें.

IMF Pak – 80

आंतरराष्ट्रीय नाणेनिधी (IMF) न पाकिस्तानचेर आपल्या मजत कार्यावळीचो फुडलो टप्पो जारी करपाखातीर ११ नव्यो अटी घाल्या आनी भारता बरोबरच्या तणावाक लागून येवजणेच्या वित्तीय, बाह्य आणि सुधारणा उद्दिष्टांक धोको वाढूक शकता असो इशारो दिला. एका मीडिया रिपोर्ट प्रमाण आयएमएफान पाकिस्तानाचेर आनीक 11 अटी घाल्ल्यान वट्ट अटी 50 जाल्यात. पाकिस्तानाचेर

घाल्ल्या नव्या अटींत नव्या 17.6 ट्रिलियन रुपयांच्या अर्थसंकल्पाची सवसदिय मान्यता, वीज बिलांवेल्या कर्ज सेवा अधिभारात वाढ आनी तीन वर्सां परस चड पोन्न्या गाडयांची आयात करपाचेर आशिल्ले निर्बंध काडून उडोवप हांचो आस्पाव जाता.

FPI – 50

संवसारीक सकारात्मक संकेत आनी देशांतल्या परिस्थितीत सुधारणा जाल्ल्यान परकी गुंतवणूकदारांनी मे म्हयन्यांत आतां मेरेन भारतीय शेअर बाजारांत 18 हजार कोटी रुपया परस चड गुंतवणूक केल्या. डिपॉझिटरींच्या आंकड्यां प्रमाण परकी पोर्टफोलियो गुंतवणूकदारांनी वा एफपीआयन शेअर बाजारांत 18,620 कोटी रुपयांची गुंतवणूक केल्या पूण मे म्हयन्यांत आतां मेरेन रिणाच्या बाजारांतल्यान 6,748 कोटी रुपया काडल्यात.

Jaishankar – 40

परराष्ट्र मंत्री एस. जयशंकर आयच्यान  नेदरलँड्स, डेन्मार्क आणि जर्मनीच्या स दिसांच्या भेटेर वतले. ह्या तिनूय देशांच्या फुडाऱ्यांक डॉ जयशंकर मेळटले अशें परराश्ट्र मंत्रालयान सांगलां. तशेंच द्विपक्षीय संबंद आनी परस्पर हिताच्या प्रादेशिक आनी जागतीक मुद्द्यांचेर आपल्या समकक्षां कडेन चर्चा करतले.

Chauhan – 60

महाराष्ट्रांत केंद्रीय कृशी मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी एक राष्ट्र एक शेती आनी एक पंगड हें ध्येय साध्य करपा खातीर आयसीएआर आनी शेतकी मळातल्या हेर भागधारकांचो समन्वय करपाचें आवाहन केलां. नागपूरांतल्या सुरेश भट सभाघरांत विकसित कृशी संकल्प अभियानाचेर भागधारक सल्लामसलतींत चौहान हाणी विदर्भा वाठारांतल्या शेतकारां कडेन संवाद सादलो. लॅब आनी जमनी मदली दरी भरून काडपा खातीर सरकार कटिबद्ध आसा अशें चौहान हांणी सांगलें.

IMD – 95

फुडले पांच दिस केरळ, कर्नाटक, कोंकण, गोंय आनी महाराष्ट्रांत घोग्यांनी पावस पडटलो असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. तशेंच फुडले  पांच ते स दिस ईशान्य भारत, उपहिमालय अस्तंत बंगाल आनी सिक्किमात  गडगड आनी जोगला मारून उटनगराचो पावस पडपाची शक्यताय आसा. अस्तंत राजस्थानांत

आयच्यान ह्या म्हयन्याचे 22 मेरेन कालोराच्या ल्हाराची शक्यताय आसा. आयज ओडिशात उश्ण आनी दमट हवामानाची शक्यताय आसा.

फुडल्या 2 ते 3 दिसांत दक्षिण अरबी दर्या, मालदीव आनी कोमोरीन वाठारांतल्या आनीक कांय वाठारांनी, बंगालच्या दक्षिण उपसागराच्या आनीक कांय वाठारांनी आनी बंगालच्या मध्य आनी ईशान्य खाडीच्या आनीक कांय वाठारांनी नैऋत्य मोन्सून फुडें सरपाखातीरची परिस्थिती अनुकूल आसा.

Maha heavy rain – 45

भारतीय हवामान खात्यान 19 ते 25 मे मेरेन महाराष्ट्रा खातीर हवामानाची शिटकावणी दिल्या. 22 मे सावन कर्नाटक दर्यादेगे लागसार उदेंत मध्य अरबी दर्याचेर उण्या दाबाचो वाठार तयार जावपाची अपेक्षा आशिल्ल्यान, पुराय महाराष्ट्रातल्या हवामानाचेर लक्षणीय परिणाम जातलो आनी हाका लागून फुडल्या सप्तकांत पावस वाडूंक शकता.

SAFF – 65

अरुणाचल प्रदेशांतल्या युपिया हांगाच्या गोल्डन जुबली स्टेडियमाचेर काल सांजवेळार जाल्ल्या फायनलींत पेनल्टी शूटआउटांत बांगलादेशाक 4-3 अशे हारोवन भारतान दक्षिण आशियाई फुटबॉल फेडरेशन(SAFF) अंडर-19 चॅम्पियनशिप 2025 जिखली. कर्णधार सिंगामायुम शमीच्या गोलांक लागून भारतान दुसर् या मिणटार आघाडी घेतिल्ली. पूण 61 व्या मिणटार मोहम्मद जॉय अहमदान गोल केलो आनी बांगलादेशान बरोबरी साधली. ते उपरांत भारतीय कर्णधार शमीन निर्णायक पेनल्टी शूट करून यजमान पंगडाक वस्तादपण जोडून दिले.

IPL – 135

आयपीएल क्रिकेट सर्तीत, काल राती दिल्लीतल्या अरुण जेटली स्टेडियमात जाल्ल्या खेळात गुजरात टायटन्स पंगडान दिल्ली कॅपिटल्स पंगडाक १० गड्यानी हारयले. दिल्ली कॅपिटल्स पंगडान गुजरातपंगडामुखार जैताखातीर २०० धावंड्यांचे मोख दवरील्ले. के एल राहूल हांणे नाबाद ११२ धावंडयो केल्यो.

सुदर्शनाक प्लेयर ऑफ़ द मैच घोषित केलो.

ह्या जैता उपरांत गुजरात टायटन्स पॉयंट टॅबलात पयल्या क्रमांकाचेर पावला आनी प्लेऑफांतय पात्र थारल्या. हाचे भायर रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू आनी पंजाब किंग्सय प्लेऑफांत पावल्यात. चवथ्या पंगडाक प्लेऑफांत पावपा खातीर सर्त सुरू आसा.ताचे आदीं जाल्ल्या आनीक एका मॅचीत जयपुरांतल्या सवाई मानसिंह स्टेडियमांत पंजाब किंग्सान राजस्थान रॉयल्साक धा धांवड्यांनी हारयलो. टॉस जिखून पयलीं फलंदाजी करपाचो पर्याय घेतलो. तांणी निर्धारित 20 ओव्हरींनी 5 बाद 219 धांवड्यो केल्यो.

आज आयपीएलत लखनौच्या भारत रत्न श्री अटल बिहारी वाजपेयी एकाना क्रिकेट स्टेडियमात लखनौ सुपर जायंटस आनी सनरायजर्स हैदराबाद हांचे मदि खेळ जातलो. सांजवेळा 7.30 वरांचेर मॅच सुरू जातली.